05/12/2025 आकाशवाणी पणजी 6.30 PM

# राष्ट्रीय खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या म्हयन्याच्या 9 तारखेक नवी दिल्लींत 2023 आनी 2024 वर्सांखातीरचे हस्तकला पुरस्कार भेटयतलयो दि. हे पुरस्कार अतुलनीय कला उत्कृश्टतायेक मान्यताय दितात आनी देशांतलें गिरेस्त आनी विविधताय आशिल्लें हस्तकला दायज सांबाळपाच्या आनी वाडोवपाच्या सरकाराच्या वचनबद्धतायेची पुश्टी करतात अशें कापड मंत्रालयान सांगलें. राष्ट्रीय हस्तकला सप्तकाच्या उत्सवाचो हो एक भाग आसा.

नरेंद्र मोदी हाणी आयज नवी दिल्लीत रशियाचे राश्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतिन हांचेवांगडा द्विपक्षीय चर्चा केली. उपरांत ताणी संरक्षण, वेपार, अर्थवेवस्था, भलायकी, शिक्षण, संस्कृताय आनी माध्यमां संबंदीत जायत्या कबलातीचेर सयो केल्यो . नवी दिल्लींत जाल्ल्या 23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर सभेंत राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीना वांगडा संयुक्त पत्रकार परिशदेंत उलयतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें

दोनुय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांचो आदान-प्रदान केलो.

फुडल्या काय वर्सांनी देशाच्या जीडीपींत सहकारी क्षेत्राचें योगदान तिप्पटीन वाडवपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी म्हटला. गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक घटमूट केल्या बगर विकसीत भारताचें सपन साकार जावंक शकना अशें ताणी गांधीनगरांत जाल्ल्या नाबार्ड-आयमाई अर्थवेवस्था शिखर सभेच्या उक्तावण वेळार सांगलें. नाबार्डाचो सहकार सारथी उपक्रम ग्रामीण सहकारी बँकांक फायदेशीर थारतलो..

सूक्ष्म पोशक साऱ्यांवेलों जीएसटी 12 टक्क्यांवयल्यान 5 टक्क्यांनी उणो केला अशी म्हायती केंद्रीय रसायन आनी सारें ज प नड्डा हांणी दिली हाका लागून ल्हान शेतकारांक चड आर्थिक लाव जातलो .
जैव कीटकनाशकांचेर जीएसटी उणी केल्यान भारतांतल्या टिकावू शेती आनी पर्यावरणाक अनुकूल पिक संरक्षण पद्दतीचेर सकारात्मक परिणाम जातलो अशें ताणी सांगलें.

शेतकारांचें कल्याण हें आपलें मुखेल प्राधान्य आसा अशें केंद्र सरकारान म्हटलां. आयज राज्यसभेंत पूरक प्रस्नांक जाप दितना कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन रेपो दर पाव टक्क्यांनी उनो केला  हाका लागून घरां, गाड्यो आनी वेवसायीक रिणां सयत वेगवेगळीं रिणां सवाय जावपाची आस्त आसा.  भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी आयज चालू अर्थीक वर्साखातीरचे पांचवे चलन धोरण जाहीर केले.

देशांत रेल्वे अपघातांत 90 टक्क्यांनी उणाव जाला अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. अपघातांच्या मुळाव्या कारणांचेर सरकार वावुरता आनी आळाबंदा हाडपाचे उपाय करतात. भारतांत स्वदेशी रितीन तयार केल्ली ऑटोमेटेड रेल्वे सेफ्टी शील्ड कवच अपघात टाळपा खातीर तयार केल्ली आसा अशें तांणी सांगलें.

वक्फ मालमत्तेची नोंदणी करपा खातीर सुरू केल्ल्या युउमीद  पोर्टलाचेर एक लाख 51 हजारां परस चड मालमत्तेची नोंदणी जाल्या अशी म्हायती केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी दिल्या. वक्फ कायदो संमत जाले उपरांत हें पोर्टल सुरू केल्ले  आनी संबंदीतांक वक्फ मालमत्तेची नोंदणी करपा खातीर स म्हयन्यांचो काळ दिल्लो. आजून मरेन ज्यांनी तांका फुडले तीन म्हयने नोंदणी करपाक  मेळटली मंत्रालय कसलीच  ख्यास्त वा खर कारवाय करचे  ना अशी आश्वासन ताणी दिले .

उड्डाण वेळापत्रकांतल्या खर व्यत्ययाचेर उपाय आनी विमान सेवा कळाव करिनासतना सुरळीत करपा हेतान  नागरी विमान सेवा मंत्रालयान विमान कंपन्यांनी, खास करून इंडिगो कडल्यान बेगोबेग अंमलबजावणी करपा खातीर उपाय आखल्यात. भौसाक जावपी असुविधाय उणी करपा खातीर आनी खासा करून इंडिगोच्या सेवांनी स्थिरताय परतून हाडपा खातीर  आदेश जारी केल्यात.
विमान प्रवाशांक जावपी त्रासा विशीं केंद्र सरकार पुरायपणान सादूर आसा आनी सगळ्या भागधारकां वांगडा उलोवप चालू आसा .

भारतिय हवामान खात्यान पंजाब, हरियाणा, उदेंत राजस्थान आनी झारखंडात  आयज शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला .  तशेंच हिमाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा आनी ओडिशात दाट धुकें पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला. ते भायर तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात गडगड आनी वीज पडपा सयत चड पावस पडपाची शक्यताय आसा.मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारात हवेचो दर्जो सामको वाईट श्रेणीत आसा.

एफआयएच हॉकी दादल्यांच्या कनिश्ट विश्वचषक सर्तीतच्या क्वार्टर फायनलींत भारत बेल्जियमपांगडा आड खेळटलो .